# <u>नुस्तेंमारी अल्प मुजत प्रशिक्षण अभ्यासक्रम</u>

ता. 22 एप्रिल 2022

नुस्तेमारी संचालनालयान एला धावजी ओल्ड गोवा हांगाच्या नुस्तेमार प्रशिक्षण केंद्रात 1 जून 2022 सावन सुरू जावपी 6 म्हयने काळाच्या अभ्याक्रमाखातीर अर्ज मागयल्यात.

क्राफ्ट्स एण्ड गीयर्स, नेव्हिगेशन एण्ड सिमॅनशीप, मरिन डिजेल नशीन देखभाल आनी चालू करप, आधुनिक जाळां निणप, सिफुड व्हॅलू एडिशन एण्ड मार्केटिंग, अक्वाकल्चर, एक्वेरिएम तयार करप आनी पेंवपा प्रशिक्षण अभ्याक्रमाखातीर अर्ज मागयल्यात.

वयल्या प्रशिक्षण अभ्याक्रम प्रवेशाखातीर कमीत कमी 8 वी पास आनी 18 ते 35 वर्सां पिराय गटातले उमेदवार पात्र आसात. अनुसूचीत जाती आनी जमाती तशेंच अणभव आशिल्ल्या नुस्तेमारी करपी समाजातल्या उमेदवारांक प्राधान्य दितले.

अभ्यासक्रमांक प्रवेश घेतिल्ल्या उमेदवारांक म्हयन्याक 1000/- रूपया विद्यावेतन दितले. तशेंच नुस्तेमारी ट्रिपीप्रमाण डीए दितले. ह्या अभ्याक्रमाखातीर अर्ज करपाची निमाणी ता. 16 मे 2022 आसा.

इत्सुक उमेदवारांनी अर्ज आनी चड म्हायती खातीर एला धावजी ओल्ड गोवा हांगाच्या नुस्तेमार प्रशिक्षण केंद्रात वा नुस्तेमारी संचालनालयाचे कार्यालय, पणजी हांगा 0832-2224838 ह्या फोन नंबराचेर संपर्क करचो वा www.fisheries.goa.gov.in ह्या वेबसायटीचेर भेट दिवची.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/282

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji